## MODEL ANSWER KEY 2024-25
## SECOND SEMESTER
**Sub: Konkani Max. Marks:80 Std: IX Time: 3Hrs**
**(MCQ 1Hr & Subjective 2Hrs)**

---

**1. जागरांत कोणाच्याय वायट सभावाविशीं शिटकावणी दिवंक......................... (1)**

**C.** अशी शॅना घडयतात आनी गायतात.

**2. रामण्णालो गाडये बैल गाडी ओडून ओडून आनी ............................. (1)**

**D.** पेंड खावन-खावन पकदस्त जाल्लो.

**3. "राव रे पूण ताका केन्नाच पुलिसांनी आडोवंक ना?" (1)**

A. प्रकाशान अनिकेताक म्हणलें.

**4. रवीन्द्र बाबान नक्षत्रविद्येचो अभ्यास करुन कसलें पुस्तक बरयलें? (1)**

**C.** रवीन्द्र बाबान नक्षत्रविद्येचो अभ्यास करुन ब्रम्हाडांतलें तांडव पुस्तक बरयलें.

**5. एका फाटल्यान एक ............ दोळ्यां सामकार घुवंत आसा. (1)**

D. उगडास

**6. जुजे हांसो ............ कसो धनया उतरांनी पालवलो. (1)**

B. उजो

**7. म्हारगाय वाडली तेन्ना कवी रुजारिओ पिंटो हांणी कितें केलें? (1)**

B. म्हारगाय वाडली तेन्ना कवी रुजारिओ पिंटो हांणी बडबड केली.

**8. भुरग्यांनी सान बाळकाकडेन इश्टागत कित्याक करची? (1)**

D. आपलें भुरगेपण याद करुंक भुरग्यांनी सान बाळकाकडेन इश्टागत करची.

**9. भारत देशाक संवसारीक महाशक्ती करपाक सगळ्या नागरिकांनी <u>आदार करपाक जाय</u>. आडी मारिल्ल्या उतराक लागपी अचूक वाक्प्रचार वळखात. (1)**

D. हातांत हात घालून रावप

**10. शेत व्हांवून गेलें तें पळोवन लोकांक <u>रडपाक येयलें</u>. आडी मारिल्ल्या उतराक लागपी अचूक वाक्प्रचार वळखात. (1)**

D. दोळ्यांत दुकां दाटप

**11. 'जागर जाणां सगळी जावपाची वाट पळयताली सुरु.' उतरांची अचूक मांडणी वळखात. (1)**

A. सगळी जाणां जागर सुरु जावपाची वाट पळयताली.

**12. 'ह्या दिसांनी भरपूर गर्मी वाडल्या.' ह्या वाक्याचें अचूक न्हयकारी रूप वळखात. (1)**

C. ह्या दिसांनी मात्तूय थंडी ना.

**13. 'तो केन्नाच फट उलयना.' ह्या वाक्याचें अचूक हयकारी रूप वळखात. (1)**

D. तो सदांच सत उलयता.

**14. 'म्हजी शेजान्न सप्तुकी बाजाराक वता.' ह्या वाक्याचें लिंग बदलात. (1)**

C. म्हजो शेजारी सप्तुकी बाजाराक वता.

**15. 'राजून सोबीत शार पळयलें.' ह्या वाक्याचें वचन बदलात. (1)**

D. राजून सोबीत शारां पळयलीं.

**16. देश - ह्या उतराचें उरफाटें उतर वळखात. (1)**

A. विदेश

**17. अरिश्ट - ह्या उतराचें समानार्थी उतर वळखात. (1)**

B. संकट

**18. दोनूय <u>पंगडामदीं</u> विचाराचो संघर्श सुरु जालो. आडी मारिल्ल्या अव्ययाची परी वळखात . (1)**

D. संबंदी अव्यय

**19. आनी - ह्या अव्ययाचें बरोबर वाक्य वळखात. (1)**

A. हांव आनी म्हजो इश्ट धांवत गेले.

**20. Cleanliness helps us to lead a healthy life. ह्या वाक्याचो अचूक कोंकणी अणकार वळखात. (1)**

B. निवळसाण आमकां निरोगी जीण जगपाक आदार करता.

**21. 'घाडी चलोवपाक ल्हायसन जाय.' ह्या वाक्याचें शुध्दरुप वळखात. (1)**

D. गाडी चलोवपाक लायसन जाय.

**22. रवीक <u>मनीसपण</u> आसलें. आडी मारिल्ल्या नामाची तरा वळखात. (1)**

C. भावनाम

**23. 'पोरसांत सोबीत गुलाब फुल्ला.' वाक्यांतलें क्रियापद वळखात. (1)**

C. फुल्ला

**24. 'भुरगे खेळामळार खेळटात.' ह्या वाक्याचें भूतकाळ रुप वळखात. (1)**

B. भुरगे खेळामळार खेळ्ळे.

**25. मनशान कोणाचो सांगात सोडूंक जायना? (1)**

B. झाडांचो सांगात सोडूंक जायना.

**26. शेताची जमीन केन्ना पिकाळ जाता? (1)**

A. शेताच्या बांदांनी झाडां लायतकच पानां पडून शेताची जमीन पिकाळ जाता.

**27. झाडां उणीं जाल्ल्यान कितें जाता? (1)**

B. झाडां उणीं जाल्ल्यान पावस उणो जाता आनी गर्मीय वाडटा.

**28. झाडांचीं मुळां कितें करतात? (1)**

B. झाडांचीं मुळां माती घट्ट धरतात.

**29. लोक झाडांचो संहार कित्याक करतात? (1)**

C. झाडांचें म्हत्व खबर नाशिल्ल्यान लोक झाडांचो संहार करतात.

**30. झाडां कोणाची भिरांत पयस दवरतात? (1)**

C. झाडां दुकळाची भिरांत पयस दवरतात.

**31. रस्त्याची सोबीतकाय केन्ना वाडटा? (1)**

D. रस्त्याच्या कडांनी झाडां लायल्यार रस्त्याची सोबीतकाय वाडटा.

**32. मनशाची लागणूक कितें? (1)**

A. झाडांची जतनाय करप ही मनशाची लागणूक.

**33. भलायकी बरी उरपाक सगळ्यांत गरजेची गजाल खंयची? (1)**

A. भलायकी बरी उरपाक सगळ्यांत गरजेची गजाल निवळसाण.

**34. भुरग्यांनी कसले खेळ खेळपाक जाय? (1)**

B. भुरग्यांनी मैदानी खेळ खेळपाक जाय.

**35. खरी संपत्ती खंयची?** **(1)**

C. भलायकी ही खरी संपत्ती.

**36. पयसो केन्ना जोडूं येता?** **(1)**

A. भलायकी घटमूट आसल्यार पयसो जोडूं येता.

**.37. भलायकेचो सांबाळ करप कोणाच्या हातांत आसता?** **(1)**

B. भलायकेचो सांबाळ करप जण एकल्याच्या हातांत आसा.

**38. दिसपट्टी आमी कसली सवंय लावन घेवपाक जाय?** **(1)**

B. दिसपट्टी आमी व्यायामाची सवंय लावन घेवपाक जाय.

**39. कांय लोक आपले भलायकेची पर्वा करिनासतना कोणा फाटल्यान लागतात?** **(1)**

B. कांय लोक आपले भलायकेची पर्वा करिनासतना पयशां फाटल्यान लागतात.

**40. भलायकेचेर वायट परिणाम कितें केल्यार जाता?** **(1)**

C. भलायकेचेर वायट परिणाम जागरण केल्यार जाता.

**<u>SUBJECTIVE EVALUATION-40 MARKS</u>**

**<u>खंयच्याय तीन</u> प्रस्नांच्यो जापो 10/20 उतरांनी. वट्ट गूण (6)**

41. रवीन्द्रबाबाचो जल्म 7 मार्च 1925 ह्या दिसा साश्ट तालुक्यांतल्या कुंकळ्ळे गांवांत जालो.

42. सुजाण नागरीक जावपाक. तशेंच रस्त्यावयले अपघात उणे करपाक येरादारीचे नेम पाळपाक जाय.

43. घाटावयल्यान आयलीं तेन्ना चिन्नास्वामीच्या आवय बापायक शिवानंद सरान आलाशिरो दिल्लो. तशेंच सरान आपल्या शेताचो कांय वांटो भागाक खडणेक दिल्लो म्हूण चिन्नास्वामी सराक देव मानतालो.

44. गोंयची आनी गांवकारांची राखण जावंची. तशेंच थळाव्या देव/देवतांक खुशाल आनी जागृत दवरूंक आदले लोक जागर मनयताले.

**<u>खंयच्याय दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40/45 उतरांनी. वट्ट गूण (8)**

**45.** रवीन्द्रबाब म्हणल्यार कोंकणी भाशेक मानाची सुवात मेळोवन दिवन ते भाशेची उदरगत करूंक जिवीतभर वावुरपी एक म्हापुरुस. ताणे कोंकणीक मानाची सुवात मेळोवन दिवपाक वेगवेगळ्या चळवळींनी वांटो घेतलो. आपली लिखणी झरयली. कोंकणी भाशा मंडळ स्थापन केलें,

कोंकणी परिशद घडोवन  हाडली, कोंकणी संमेलनां आयोजीत करूंक आपले व्हड योगदान दिलें. गोंयच्या समाजाक वेळोवेळ आनी सातत्यान जागृत दवरून ताका उजवाडाची दिका दिवपी हो दीपस्तंभ.

**46.** बरोवप्याच्या पंगडांतले दोग जाण पंगड सोडून वेगळेच वाटेन गेले. बर्फ साचून, दाटून, बर्फाचीच खडपां जाल्ले वाटेन ते वता आसतना अकस्मात बर्फाचें खड्प मर्दी पेंचलें. लैंड स्लायड जाले बराबर त्या दोनूय तरणाट्यांनी जिवाच्या आकांतान सकयलो भाग सोडून दिवन वयल्या भागाचेर उडी मारली. पूण तांणी मारिल्ली उडी मुखावेल्या खडपाचेर पडचे बदला, त्या बर्फाची जमीन पेंचून उगती जाल्ले खाचींत पडली. दोगूय तरणाटे ते खाचींत शिरकून उरले.

**47.** 16 जानवरी 1967 तारीख उदेली आनी सगळ्यांनी विचार करून मतदान केलें. 17 तारखेक मतां मेजपाक सुरवात जाली. युनायटेड गोवन्स पक्ष, काँग्रेस पक्ष, कोंकणी मोगी पंगड, शाबू देसाय हांची ज्योत आनी उल्हास बुयांव हांचें कलापथक ह्या पंचशक्तीनी केल्ल्या उत्स्फुर्त वावराक यश आयलें. 19 तारकेक दोन पानां 34 हजारांपरस चड मतांनी जिखलीं. गोंयच्या अस्तित्वाचो प्रस्न कायमचो सुटलो. हो जनमत कौल गोंयकारांनी कसोच विसरूंक फावना.

**<u>खंयच्याय दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 15/20 उतरांनी.   वट्ट गूण   (4)**

48. खूब कितें करपाचें आसलें तें सगळें तशेंच उरलें. म्हरगाय वाडली तेन्ना ताचेर उपाय काडपाचो विचार तसोच उरलो. पोरण्या वर्साच्यो आशा, चिंता, हुस्को हाचेर विचार करपाचें तशेंच उरलें अशें कवी म्हणटा.

**49.** ‘खंय गेलो म्हजो गांव’ कवितेंतलो कवी खूब वर्सां उपरांत आपल्या गांवांत परतलो. ताका आपले आदले मनीस मेळटले, सवंगडी मेळटले, आपूण खेळ्ळीले पारंपारीक खेळ,  मांडांच्यो ओळी आनी तळीं पळोवपाक मेळटलीं. काजू, चिंचो, बोरां, तोरां पुंजायतात तीं भुरगीं पळोवपाक मेळटली. ह्या उमळशिकेन कवी गांवांत परतलो.

**50.** भाटकारान जुजेक सांगलें की तूं म्हजो रिणी. कित्याक तर तुज्या बापायन म्हाका पांचशी रूपया दिवचे आसले तातूंतले आयज दोनशी फिटले आनी तिनशी उरले.

**<u>खंयच्याय दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 25/30 उतरांनी. वट्ट गूण   (6)**

**51.** ‘इश्टागत’ कवितेंत कवी खरी इश्टागत म्हणजे कितें ते सांगता. इश्टागत कोणें कोणाय कडेन करूं येता. ती खंयच्याच फास्केंत बसना. ती मुक्तपणान वावुरता.

52. कवी म्हणटा की आदल्या तेंपावयल्या गांवांनी सगळे कडेन ओळीन उबे आशिल्ले माड धोलताले. तशेंच तांकां पळोवन मन धादोसतालें. गांवांनी सगळे कडेन उदकाची तळीं दिसतालीं. तीं सैमाचे सोबीतकायेत रंग भरतालीं. भुरगीं थंय न्हावपाक, खेळपाक वतालीं.
**53.** माडार चडच्या पयली जुजेची अणभवी नदर नाल्लाचे पेंडयेर पडटकच तो खंयचो नाल्ल, खंयचें आडसर, खंयचें वांज आनी खंयचो सुको हें पारखिता. तशेंच माडाक पळयना बरोबर खंयचो माड पोको हें ताका एका खिणांत कळटा. तो अणभवी जाल्यान एका माडा वयल्यान कांयच न्हय कसो चडटा देंवता म्हणून तो अणभवी पाडेली हें समजता.

54. संवाद.

विशयाक धरून आसल्यार, विराम चिन्नांचो फावो तो वापर आसल्यार, संवाद पुराय आसल्यार, भाशा शुध्दी, व्याकरणीक चुको लक्षांत घेवन फावो ते गूण दिवचे.
वट्ट गूण (4)

55./ 56 चीट

| | |
|---|---|
| चीट धाडप्याचो नामो | ½ |
| तारीख | ½ |
| चीट मेळप्याचो नामो | ½ |
| विशय | ½ |
| चीटिचो विस्तार | 2½ |
| सय | ½ |

**निबंद**

**57. / 58. / 59. / 60.**

प्रस्तावना, वाक्प्रचार, म्हणिंचो वापर, भाशा शुध्दी, विराम चिन्नांचो अचूक वापर, विशय मांडावळ, व्याकरणीक चुको लक्षांत घेवन फावो ते गूण दिवचे.
वट्ट गूण **(7)**

---